**दक्षीण गोंयांत रस्ते खणपाक/कातरपाक मनाय**

ता. 25 सप्टेंबर 2025

म्हायती तंत्रज्ञान, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी कम्युनिकेशन खात्यान कळीत केला, की रस्त्यांच्या कडेक घातिल्ल्या ऑप्टिकल फायबर केबलांलागी कसलेय खणपाचे काम केल्यार टेलेकॉम नेटवर्क सेवेक खर व्यत्यय येवपाक शकता आनी ताका लागून 26 आनी 27 सप्टेंबर 2025 दिसा जावपी प्रधानमंत्र्यांच्या 4जी उक्तावणाच्या कार्यक्रमा खातीर आवश्यक आशिल्ल्यो कम्युनिकेशन सेवा बंद पडटल्यो. ते खातीर भौशीक बांदकाम खाते, वीज खाते, उदका पुरवण, सिव्हेज, गॅस पायपलायन, नगरपालिका, पंचायत, टेलेकॉम/आयएसपी ऑपरेटर, खाजगी कंट्राटदार आनी हेर संबंदीत यंत्रणांक वयर नमुद केल्ल्या काळात दक्षीण गोंयांत रस्ते खणपाचे, चर मारपाचे वा रस्ते कातरपाचे काम बंद दवरपाचो आदेश दिला. ह्या आदेशाचे उल्लघन करप्यांचेर खर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/784

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.